भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# गिरेस्त मनीस, गरीब मनीस



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जेजूक खबर आशिल्लें जायत्या धर्मगुरूंक देवा परस चड पयशांचो मोग आसा. दोग लोकांक कितें जालें, आनी देवा बगर गिरेस्तकाय आसप कित्याक निरुपयोगी आसा तें ताणें सांगलें. आमी गिरेस्तकायेन सर्गार देवा वांगडा जिवीत विकतें घेवंक शकनात.



एक खाशेलो गिरेस्त मनीस आशिल्लो, ताचे कडेन सोबीत कपडे आशिल्ले, जांकां खूब पयशे लागताले. तो राजावरी कपडे घालतालो.



गिरेस्त मनीस खूब बरें खातालो. दर एक जेवण एक व्हड मेजवानी सारकें आशिल्लें. ताचे कडेन इतले पयशे आशिल्ले की ताका नाश्तो, जेवण, रातच्या जेवणा खातीर – वा मदीं खावपा खातीर खावपाक जाय तें
कितेंय विकतें घेवंक मेळटालें.



गिरेस्त मनशाच्या घराच्या दारांत एक गरीब, दुयेंत, उपाशी भिकारी आसलो. ताचें नांव लाजार.





बिचारो लाजार फोडांनी भरिल्लो. ताका दुयेंस जाल्लें आसूं येता. हेरांनी ताचे कडेन वायटपण केल्ल्यान ताका काप आनी फोड आयिल्ले आसूं येतात. घडये ताका दूद, भाजी वा मांस सारकें बरें जेवण नाशिल्ल्यान फोड आयले.

लाजाराक
जेवणाची
तळमळ
आशिल्ली.
गिरेस्त
मनशाच्या
मेजार उरिल्लें
जेवण दिल्यार
खोशी ताका
जावपाची.



भटकली सुणी
केन्ना केन्ना गरीब
भिकारी लागीं
येताली. ताचे
भोंवतणीं सुंगटां
मारून ताचे
जखमे चाटताली.
लाजार उपाशी
पडटालो हाची
कोणाक काळजी
नाशिल्ली अशें
दिसता.



एक दीस सकाळीं लाजार जागो जालो ना. बिचाऱ्या उपाशी, इश्ट नाशिल्ल्या भिकाऱ्यान हें जिवीत सोडून दिल्लें. लाजार मेलो.



लाजाराक मरण आयिल्ल्याच खिणाक
आनंद सुरू जालो. जेजून सांगलें की
देवदूतांनी ताका अब्राहामा वांगडा रावपाक
व्हेलो. लाजाराक देवान
सांत्वन दिलें.



गिरेस्त मनशाकय मरण
आयलें. ताच्या सगळ्या
पयशांनी ताचो जीव वाटावंक
मेळ्ळो ना. मरण आयलें तेन्ना
कोणाकच आडावंक मेळ्ळें ना.



गिरेस्त मनशाक पुरलो. घडये तो व्हडलो संस्कार आशिल्लो. घडये लोकांनी त्या गिरेस्त मनशाची तोखणाय केल्ली आसतली, तो हुशार आनी येसस्वी आशिल्लो. पूण तांच्या तोखणायेन ताका कसलोच फायदो जालो ना. गिरेस्त मनीस नरकांत आशिल्लो.



नरकांत गिरेस्त मनीस रडलो, “बापा अब्राहम, लाजाराक धाड, ताणें आपल्या बोटाची तोंक उदकांत बुडोवन म्हजी जीब थंड करपाक; कारण ही ज्वाला सोंसूंक जायना.”



“जीणेंत तुका सगळें आशिल्लें आनी लाजाराक कांयच नाशिल्लें” अब्राहामान त्या गिरेस्त मनशाक याद करून दिली. “आतां लाजाराक सांत्वन मेळ्ळा आनी तुका त्रास. तुज्या आनी आमचे मदलो व्हडलो खाडी कोणूच पार करूंक शकना.”



“माझ्या पांच भावांक शिटकावणी दिवपाक लाजाराक धाड” त्या गिरेस्त मनशान विनवणी केली. “ह्या त्रासाच्या जाग्यार ते येवचे म्हाका नाका.”



“तुज्या भावांक देवाचें उतर आसा” अब्राहामान जाप दिली. पांच भावांक पवित्र पुस्तकाचेर विस्वास ना जाल्यार, लाजार मेल्ल्यांतल्यान परत आयल्यार ते विस्वास दवरचे नात.



जेजून गिरेस्त मनशाची आनी लाजाराची काणी सोंपताना, घडये धर्मगुरूंनी स्वताक विचारलें, “हांव “देवाच्या मोगा परस” गिरेस्तकायेचो चड मोग करतां?
आतां तांकां कळ्ळें की तांणी देवाच्या उतराक पाळो दिवंक ना जाल्यार कितें जातलें.



गिरेस्त मनीस, गरीब मनीस

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

लुकास १६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16